# महसूलमंत्र्यान बहुउद्देशीय सभाघर बांदकामाची पळोवणी केली

ता. 5 जुलय 2017

14 आषाढ 1939

महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी काल साल्वादोर-द-मुंद पंचायत वाठारातल्या बहुउद्देशीय सभाघर आनी कार्यालय प्रकल्प तशेंच खेळा प्रकल्पाचे बांदकामाची पळोवणी केली.

गोंय राज्य साधनसुविधा महामंडळावतीन बहुउद्देशीय सभाघर आनी इमारत प्रकल्पाचे बांदकाम चालू आसून ह्या प्रकल्पात पंचायत कार्यालय, दुकाना, पोस्ट ऑफिस, भलायकी केंद्र, खेळ आनी हेर सुविधा आसतल्यो.

ह्या प्रकल्पाखातीर सुमार 24 कोटी खर्च येतलो आनी तो सप्टेंबर 2017 मेरेन पूर्ण जातलो.